# स्वच्छ भारत अभियान सर्वेक्षण

ता. 30 नाव्हेंबर 2017
9 मार्गशीष 1939

2014 वर्सा जेन्ना भारताच्या प्रधानमंत्र्यांनी स्वच्छ भारत अभियानाची सूरवात केली, तेन्ना 2019 मेरेन देशाक उक्ताडार हागमूक्त करपाचें तांचे सपन आशिल्लें आनी तांणी देशाच्या प्रत्येक नागरीकाक हे अभियान यशस्वी करपाचो उलो मारिल्लो. स्वच्छ भारत अभियान यशस्वी करपाखातीर सगळ्यां राज्यांनी मोठ्याप्रमाणात कार्यक्रम सूरू केले आनी ह्या अभियानाचो उद्देश फळाक येवपाक लागलो. गोंय राज्यानय अभियानाच्या वावरांक नेटान सूरवात केली. 2019 पयली गोंय राज्य उक्ताडार हागमूक्त करपाखातीर झुजा पावंड्यार वावर सूरू आसा.

पंचायत संचालनालयान हे उद्दीश्ट पूर्ण करपाखातीर पयले सुवातेर जिल्हा ग्रामीण उदरगत संस्था आनी जीआयपीएआरडी च्या जोड पालवान ग्रामीण वाठारांत सर्वेक्षणाचे काम हातात घेतला. हे सर्वेक्षण सामाजिक वावूरपी आनी आप मजत गटांमार्फत गट विकास अधिकाऱ्यांच्या देखरेखीखाला जातले. रिसोर्स पर्सन घरांघरांनी भेट दिवन कुटुंबाक शौचालय आसा काय ना, आसा जाल्यार ते वापराखातीर योग्य स्थितीत आसा काय ना, कितल्या कुटुंबांक शौचालय ना, कितल्या कुटुंबांकडेन जमीन आसा आनी ते मुंडकार आसल्यार भाटकाराची वा हेर खंयचेय संस्थेचो ना हरकत दाखलो उपलब्ध करपाक शकतात काय ना, जमीन आसा, जाल्यार कुटुंबाची आर्थिक स्थिती, अशी म्हायती एकटाय करतले.

पयल्या टप्प्यात उत्तर गोंयातल्या पेडणे, बार्देस आनी दिवचल आनी दक्षिण गोंयातल्या केपे आनी काणकोण तालूक्यातल्या 89 ग्राम पंचायतीच्या मिळून 691 वार्डांनी 97 पर्यवेक्षक आनी 695 गणटी कर्मचारी सर्वेक्षणाचे काम करतले. त्याउपरांत तिसवाडी, धारबांदोडा आनी फोंडा आनी निमणे सांगे, साश्ट, मुरगांव आनी सत्तरी तालूक्यात सर्वेक्षण जातले.

कुटुंबातली दिव्यांग व्यक्ती, उदकाची सुविधा तशेंच शिक्षण संस्था, अंगणवाडी, भलायकी केंद्र, ग्रामपंचाय कार्यालय, सरकारी कार्यालय, धार्मिक स्थळावयल्या शौचालय सुविधेविशी सर्वेक्षण करतले.

ह्या सर्वेक्षणातल्यान सरकाराक शौचालय आशिल्ल्या आनी शौचालय नाशिल्ल्या कुटुंबाची सविस्तर म्हायती मेळटली आनी गोंय हे देशातले उक्ताडार हागमूक्त आशिल्ले राज्य करपाक मदत जातली.